# **नाविकांक कळोवणी**

ता. 13 मार्च 2025

दोनापावलाच्या राष्ट्रीय दर्या विज्ञान संस्थेवतीन 19 मार्च 2025 दिसा गोंयच्या दर्यादेग वाठारांतल्या वेगवेगळ्या सुवातांचेर उदकाचे नमुने घेवन उदकाचो अभ्यास करपात येतलो.

ते खातीर गोंयच्या दर्यादेग वाठारांतल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जीं, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी वयल्या दिसा उदकाची तपासणी करपाचे काम चालू आशिल्ल्या दर्या वाठारांतल्यान खबरदारी घेवन सवकसायेन येरादारी करची. तशेंच गस्त बोटीकडल्यान मेळपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/225

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.